5 April 2025 सकाळी - 8.40

मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज कोलंबोंत, श्रीलंकेचे राष्ट्रपती अनुरा कुमार डिस-नायके हांचे कडेन, खासा करून उर्जा, वेपार, जोडणी आनी संरक्षण ह्या मळार द्विपक्षीय संबंद घटमूट करपाखातीर, व्यापक संवाद साधतले.
- घरमंत्री अमित शाह आयज छत्तीसगढच्या रायपूरांत, नक्सल विरोधी कारवायांचेर नियाळ बसका घेतले.
- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी, इमिग्रेशन आनी विदेशी विधेयक 2025साक मान्यताय दिल्या.
- शूटिंगांत, भारताची सिफत कौर सामरा हिणें, आर्जेन्टिनाच्या ब्युए-नॉस आयरे-सांत चालू आशिल्ल्या, ISSF विश्वचषकांत बायलांच्या 50 मीटर रायफल थ्रीं गटात भांगरा पदक जिखलां.

पीएम श्रीलन्का - 100

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज कोलंबोंत, श्रीलंकेचे राष्ट्राध्यक्ष अनुरा कुमार डिस-नायके हांचे कडेन खासा करून उर्जा, वेपार, जोडणी आनी संरक्षण ह्या मळार द्विपक्षीय संबंद घटमूट करपा खातीर, व्यापक उलोवणी करतले. प्रधानमंत्री मोदी काल सांजे, तीन दिसांच्या श्रीलंका भेटेर राजधानींत पावले. राष्ट्राध्यक्ष दिस्ना-नायके हांच्या मंत्रीमंडळांतल्या वरिश्ठ मंत्र्यांनी, बंदर-नायके आंतरराष्ट्रीय विमानतळार, प्रधानमंत्री मोदी हांका कोलंबोंत, येवकार दिलो. फाटल्या वर्सा सप्टेंबरांत, राष्ट्राध्यक्ष डिस-नायके हाणी पदभार घेतले उपरांत, प्रधानमंत्री मोदी हे श्रीलंकेक भेट दिवपी पयले परकी सरकाराचे मुखेली आसात. बँकॉकांत जाल्ल्या बिमस्टेक शिखर सभेंत, वांटो घेवन, थायलंडाची दोन दिसांची भोंवडी सोंपोवन, प्रधानमंत्री मोदी श्रीलंकेंत पावले.

Shah Home Minister -

केंद्रीय घरमंत्री अमित शाह आयज दांतेवाड्यांतल्या बस्तर पांडमाच्या समारोप सुवाळ्याक हाजीर रावपाचो आसा. बस्ताराची गिरेस्त आदिवासी कला आनी संस्कृताय परतून जिवीत करून देशांत आनी वीदेशा मुखार हाडपा खातीर बस्तार पांडम म्हळ्यार बस्तर उत्सव आयोजीत करतात. ह्या तीन दिसांच्या कार्यावळी खाला आदिवासी नाच, लोकगीत, आदिवासी नाटक, वाद्य, वेशभूषा, दागिने, हस्तकला आनी जेवण अशा सात विशयांनी सर्ती आयोजीत केल्यो. बस्तर पांडम हाच्या फुडारपणाखाल 3 एप्रीलाक सुरू जाल्ली विभागीय पांवड्यावेली सर्त आयज सोंपतली.केंद्रीय घरमंत्री दंतेवाड्यांतल्या माँ दंतेश्र्वरीच्या देवळाक भेट दितले. ते भायर आयज सांजवेळा रायपूरांत विभागीय पुनरावलोकन बसका घेवन नक्सल विरोधी कारवायांचे नियाळ तशेंच फुडाराच्या रणनितीचेर चर्चा करतले.

मुर्मू -

भारतांत परकी लोकांच्या इमिग्रेशन, प्रवेश आनी रावपाचेर नियंत्रण दवरपाचो यत्न करपी, इमिग्रेशन आनी विदेशी विधेयक, 2025 खातीर, राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी संमती दिल्या. ह्या कायद्यांन पासपोर्ट (भारतांत प्रवेश) कायदो 1920, विदेशी लोकांची नोंदणी कायदो 1939, विदेशी कायदो 1946, आनी इमिग्रेशन (वाहक दायित्व) कायदो 2000 हे कायदे रद्द केल्यात. ह्या सप्तकाचे सुरवेक ,संसदेन ह्या विधेयकाक मान्यताय दिल्या उपरांत, राष्ट्रपतीची मान्यताय मेळ्ळी.

पीएम बिमस्टेक -

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी बिमस्टेकांत, संस्था आनी क्षमता निर्माण करपाचे दिकेन, भारताच्या फुडारपणा खाला जायते उपक्रम जाहीर केल्यात. बिमस्टेक म्हळ्यार 'बे ऑफ बंगाल इनिशिएटिव्ह फॉर मल्टी-सेक्टरल टेक्निकल अँड इकोनॉमिक कोऑपरेशन'. काल बँकॉकांत जाल्ल्या 6व्या बिमस्टेक शिखर सभेंत वांटो घेवन' प्रधानमंत्र्यानी सहकार्याच्या वेगवेगळ्या आंगांचो आस्पाव करून, 21

मुद्द्यांचो कृती आराखडो प्रस्तावीत केलो. वेवसायीक संबंद घटमूट करप, आयटी क्षेत्राची क्षमता वापरप आनी आपत्ती वेवस्थापनावेळार सहकार्य करप, खास करून म्यानमार आनी थायलंडांतल्या हालीं जाल्ल्या भूंयकांपाचेर, कृती येवजणेंक भर दिला. तरणाट्यांक कुशळटाय दिवपा खातीर, प्रधानमंत्र्यानी बोधीचो नवो कार्यक्रम जाहीर केलो. बोधी म्हळ्यार 'बिमस्टेक - मनीस संसाधन मुळाव्या साधन सुविधांचो संघटीत विकास'. ह्या खाला वेवसायीक, विद्यार्थी, संशोधक, राजनयिक आनी हेरांक प्रशिक्षण आनी शिश्यवृत्ती दितले.

## ओम बिर्ला उझबेकिस्तान -

लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला आयच्यान, उझबेकिस्तानांतल्या ताशकंदांत सुरू जावपी आंतर संसदीय संघटणेच्या 150व्या विधानसभेंत, संसदीय प्रतिनिधी मंडळाचें फुडारपण करतले. 'समाजीक उदरगत आनी न्याया खातीर संसदीय कृती' ह्या विशयाचेर, सामान्य वादविवादाच्या उच्च पांवड्यावेल्या विभागांत, ओम बिर्ला विधानसभेंत, संबोधन करतले. ह्या प्रतिनिधी मंडळांत राज्यसभेचे उपाध्यक्ष हरिवंश आनी खासदार भरत-रुहारी महताब, अनुराग सिंग ठाकुर, डॉ. सस्मीत पात्रा, अशोक कुमार मित्तल, किरण चौधरी आनी लता वानखेडे हांचो आस्पाव आसा. तशेंच भारतीय संसदीय प्रतिनिधी मंडळाचे वांगडी, गव्हर्निंग काउन्सिल, कार्यकारी समिती, स्थायी समिती, आनी वेगवेगळ्या विशयात्मक पम्नल चर्चा सयत, वेगवेगळ्या आय.पी.यू संस्थांच्या बसकांनी वांटो घेतले.

## अश्विनी वैष्णव -

केंद्रीय रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव आयज सावन, तमिळनाडूच्या दोन दिसांच्या भोंवडेर आसतले. आधुनीकिकरण केल्ल्या पांबन रेल्वे पुलाच्या, उक्तावणाची निमाणी तयारी पळोवपा खातीर, मंत्री वैष्णव आपल्या ह्या भेटी वेळार, रामेश्वरमाक भेट दितले. भारतांतलो पयलो vertical lift sea bridge आशिल्ल्या, नव्या पंबन रेल्वे पुलाचें उक्तावण करपा खातीर, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां राज्याक भेट दिवपाचे आसात. प्रधानमंत्री रस्त्याच्या पुला वयल्यान रेल्वेगाडी

आनी जहाजाक बावटो दाखयतले आनी पुलाच्या कार्यपद्दतीचें निरिक्षण करतले. प्रधानमंत्री मोदी बावटो दाखयतले ते गाडयेंत, केंद्रीय मंत्री वैष्णव चडटले. ह्या कार्यावळीक ताचे वांगडा, केंद्रीय म्हायती आनी प्रसारण राज्यमंत्री, डॉ एल मुरुगान हाजीर आसतले.

UNICEF-

UNICEF आनी संयुक्त राष्ट्रांच्या खण कृती सेवा (UNMAS) हांणी संयुक्तपणान इराकी भुरग्यांक चालू आशिल्ल्या बारूद धोक्यांतल्यान राखण दिवपा खातीर बेगोबेग कारवाय करपाचो उलो मारला. दोनूय संघटनांनी जाहीर केल्ल्या संयुक्त निवेदना प्रमाण इराकांत बारूद आनी झुजाचे स्फोटक अवशेश जिवाक धोको निर्माण करपाक लागल्यात आनी भुरगीं असुरक्षित आसात.फाटल्या पांच वर्सांत स्फोटांत उण्यांत उणें 314 भुरग्यांक मरण आयिल्ल्या वा जखमी जाल्ल्याचें निवेदनांत उक्तें जालां, अशें संयुक्त राष्ट्र संघटनेच्या अधिकृत अहवालांत उल्लेख केला. इराकाक अजूनय स्फोटा खातीर म्हत्वाचो धोको आसा आनी 2,700 चौखण km परस चड जमीन दूषित उरल्या अशें तांणी सांगलां.

Piyush Goel -

नवनिर्माण आनी तंत्रगिन्यान, आदारीत भारत देश संवसारीक फुडारी म्हूण उदेपाचो आसा, अशे वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी महणला. काल नवी दिल्लींतल्या भारत मंडपमांत जाल्ल्या स्टार्टअप महाकुंभाच्या दुसऱ्या आवृत्तींत उलयतना मंत्री गोयल हांणी देश नवनिर्माणेत संवसारांत म्हत्वाची उदरगत करता आनी बेगीनूच संवसारीक मळार हाचो बरोच परिणाम जातलो, अशें सांगलें. तरणाटो भारत, संवसाराक हातांत घेवपाक उत्सुक आनी तयार आसा अशें तांणी नदरेक हाडलें. मंत्री गोयल हाणी स्टार्टअप महाकुंभ कार्यावळीचीय तोखणाय केली.

ISSF Sports -

ISSF संवसारीक करंड आशियाई खेळां सर्तींत पदक विजेतो शूटर चेन सिंगान काल आर्जेन्टिनाच्या ब्युएनॉस आयरेसांत भारताखातीर पयलें पदक मेळयलें. दादल्यांच्या 50 मीटर रायफल 3 पोझिशन सर्तींत ताणें 443.7 गूण मेळोवन कांस्य पदक मेळयलें . हंगेरी इस्तवान पेनीन 461.0 गूण मेळोवन भांगरा पदक जिखलें जाल्यार चीनाचो तियान जियामिंग हाणें 458.8 गूण मेळोवन रुप्या पदक मेळयलें. शूटिंगांत, भारताची सिफत कौर सामरा हिणें, आर्जेन्टिनाच्या ब्युए-नॉस आयरे-सांत चालू आशिल्ल्या, ISSF विश्वचषकांत बायलांच्या 50 मीटर रायफल थ्रीं गटात भांगरा पदक जिखलां.

IMD -

भारतीय हवामान खात्यान फुडल्या 4 ते 5 दिसांत वायव्य भारताच्या कांय वाठारांनी उश्णतायेच्या ल्हारांचो अदमास उक्तायला . हवामान खात्याच्या म्हणण्या प्रमाण फुडले 2 दीस हिमाचल प्रदेशांतल्या सुवातांनी आनी ह्या म्हयन्याच्या 9 तारखे मेरेन दिल्ली, हरियाणा, राजस्थान, अस्तंत उत्तर प्रदेश, पंजाब आनी गुजरातांत उश्णतायेच्या ल्हारांची परिस्थिती पातळपाची शक्यताय आसा. तशेंच गुजरातात 10 मेरेन आनी कोंकण आनी गोंयांत 9 एप्रील मेरेन उश्ण आनी दमट हवामानाची शक्यताय आसा. तशेंच फुडल्या 5 ते 6 दिसांत वायव्य भारतांत आनी मध्य भारतात चडांत चड तापमान 2 ते 4 डिग्री सेल्सियस वाडटलें असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतून एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज कोलंबोंत, श्रीलंकेचे राष्ट्रपती अनुरा कुमार डिस-नायके हांचे कडेन, खासा करून उर्जा, वेपार, जोडणी आनी संरक्षण ह्या मळार द्विपक्षीय संबंद घटमूट करपाखातीर, व्यापक संवाद साधतले.

- घरमंत्री अमित शाह आयज छत्तीसगढच्या रायपूरांत, नक्सल विरोधी कारवायांचेर नियाळ बसका घेतले.

- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी, इमिग्रेशन आनी विदेशी विधेयक 2025साक मान्यताय दिल्या.

- शूटिंगांत, भारताची सिफत कौर सामरा हिणें, आर्जेन्टिनाच्या ब्युए-नॉस आयरे-सांत चालू आशिल्ल्या, ISSF विश्वचषकांत बायलांच्या 50 मीटर रायफल थ्रीं गटात भांगरा पदक जिखलां.

इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो, आकाशवाणी पणजीच्या खबर विभागाचे, मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें, आयज सांजे साडे स वरांचेर. नमस्कार